Panaji Regional 7th November 2025 7.25am

रश्मी 100

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रगीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्याच्या फांटभुयेर राश्टीय पांवड्यार वंदे मातरम ह्या राश्ट गीत रचनेचो दीस मनवपाचो थारायला. तशेंच भाजपानुय हे फांटभुयेर गोंयात लेगीत आज सकाळीं 11 वरांचेर सगळ्या भाजपाच्या कार्यालयांनी एकाच वेळार हें गीत गावपाच्या खासा कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी दील्या.वंदे मातरम ह्या गीतान भारतीयां मदल्या देश मोगाक उर्बा दीली.देशाच्या संस्कृती सयत, सैमीक गिरेस्तकाय आनी भुगोलीक महत्वाचे सोबीत वर्णन वंदे मातरम ह्या गीतान आसा.भारताच्या स्वातंत्र्य लढ्यात वंदे मातरमान सुटके झुजाऱ्यांमदी चेतना तयार केली आनी म्हणुनुच आयज देश स्वातंत्र्य जावन आयज आम्ही लोकशायेचे राज्य करपाक पावले अशे दामू नायक हांणी म्हणला.BYTE

सुभाष 85

आज सकाळीं 9 वरा 50 मिनटाचेर सगल्या शाळांनी वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताचें सामुहीक गायन करचें अशें गोंय शिक्षण संचालनालयान मागला. अंदू वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सां पुराय जातात. बंकीम चंद्र चॅटर्जी हांणी ७ नोव्हेंबर १८७५ दिसा हें गीत बरयल्ले. ह्या घडणूकेक १५० वर्सां पुराय जाल्ल्यान हें गीताचे प्रस्तुतीकरण व्हडा प्रमाणांत जावंचे म्हूण ही कार्यावळ आंखल्या. ह्या गीताच्या सामुहीक गायनांत शिक्षकांनी, नागरिकांनी, विद्यार्थ्यांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेवचो अशें परिपत्रकांत म्हणलां. 7 नोव्हेंबर 2025 ते 7 नोव्हेंबर 2026 ह्या एका वर्साच्या काळांत अशे जायते कार्यक्रम घडोवन हाडटले अशेंय परिपत्रकांत म्हणलां.

सुशांत 130

गोंयांतल्या हॉस्पिटलांनी फावो त्यो सुविधा मेळोवन दिवपाखातीर गोंय सरकार यत्न करता. मडगावच्या दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलांत फुडल्या दोन ते तीन म्हयन्यात सगळ्यो सुविधा दिवन ते सुसज्ज करपाचो सरकाराचो प्रयत्न आसा अशे भलायकी मंत्री विश्र्वजीत राणे हांणी म्हणला. मालभाट-मडगावा काल

अर्बन आयुष्मान भलायकी केंद्राचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. ह्या वेळार भौशीक बांदकाम मंत्री आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर, भलायकी खात्याच्यो संचालक डॉ.रूपा नायक आनी नगरसेवक तशेंच सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

गोंयांतल्या हॉस्पिटलांच्या गरजेची वळेरी आमी तयार केल्या आनी गरजे प्रमाण हीं कामां हातांत घेतले. गोंयांत 17 वेलनेस केंद्रां आसात आनी त्या सगल्या केंद्रांनी अत्याधुनिक तपासणी मशीनां उपलब्ध करून दितले, जाका लागून मुळावे चांचणेचे अहवाल बेगोबेग मेळूंक शकतले अशें भलायकी मंत्री राणे हांणी सांगलें

दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलाचो दर्जो वाडोवपाच्या हेतान मुख्यमंत्र्या कडेन चर्चा जाल्या अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलें.

सुशांत 65

दक्षिण गोंयांतल्यान आतामेरेन ३३२१ रान हक्क कायद्याखाला दाखल केल्ले दावे निकालात काडल्यात अशी माहिती दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयांतल्यान दिल्या. दक्षिण गोंयची जिल्होधकारी एग्ना क्लीटस हांच्या अध्यक्षतेखाला ही विशेष मोहिम सुरु आसा. काल ह्या मोहिमेखाला काणकोण तालुक्याच्या रान हक्क दाव्याचेर मडगावच्या जिल्लोधिकारी कार्यालयांत चर्चा जाली. ह्या वेळार खोतीगांव, खोल आनी श्रीस्थळ वाठारांतल्यान आयिल्ल्या 409 दाव्यांची पळोवणी केली. क्लीटस हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले हे बसकेंत काणकोण तालुका उपविभाग समितीच्या अधिकाऱ्यांनी वांटो घेतिल्ला.

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांतचड तापमान 32 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 24degrees celcius इतले आसतले.

DIP 75

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय गोंयांत 8 ते 15 डिसेंबर मेरेन अखिल भारत नागरी सेवा फुटबॉल चॅम्पियन सर्तींचे आयोजन करतले. नागरी सेवा कर्मचाऱ्यांक ह्या सर्तीत वाटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर खात्यावतीन 10 आनी 11 नोव्हेंबराक सांताक्रुझ फुटबॉल मैदान, हांगा नागरी सेवा फुटबॉल पंगड निवड चाचणी आयोजीत केल्या. सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान

सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामाना सयत सकाळी 8.30 वरांचेर निवड चाचणेच्या थळार विभागीय खेळा आयोजक प्रकाश सतरकर हांचे कडेन संपर्क साधचो.